## तरणाटयांक 'सुर्यमित्र' येवजणेत सहभागी जावपाचो उलो

ता. 29 नोव्हेंबर 2018
8 मार्गशीर्ष 1940

सौर ऊर्जेचेर खास भर दिवन पुर्नवापर ऊर्जा क्षेत्रात सौर उर्जा यंत्रणां बसोवप, कार्यान्वित करप आनी उपरांत विक्री सेवा दिवपाखातीर भारत सरकाराच्या नवीन आनी पुर्नवापर ऊर्जा मंत्रालयान राष्ट्रीय सौर ऊर्जा संस्थेच्या सहकार्यान पन्नास हजार 'सुर्यमित्र' निर्माण करपाची येवजण आखल्या.

मंत्रालयान हया येवजणेखातीर गोंय ऊर्जा विकास एजन्सीची (गेडा) राज्य नोडल एजन्सी म्हुण नेमणूक करून एजन्सीक 400 सुर्यमित्रांक प्रशिक्षण दिवपाची मोख दिल्या. गोंयात सुर्यमित्र प्रशिक्षण कार्यक्रम आयोजित करपाखातीर राष्ट्रीय सौर ऊर्जा संस्थेन मिकॉन कंन्सल्टंन्सी अँण्ड इंजिनियरींग सर्व्हिसीस ली. ची निवड केल्या आनी डिसेंबर 2018 सावन खोर्ली-ओल्ड गोवा हांगाच्या मॉन्टफोर्ड टेक्निकल संस्थेत दोन बॅचीनी सुर्यमित्र प्रशिक्षण कार्यक्रम आयोजित करतले.

संस्थेचे वांगडी सचिव श्री. संजीव जोगळेकर हांणी गोंयच्या युवकांक हया कार्यक्रमात सहभागी जावपाचो उलो मारला. हो प्रशिक्षण कार्यक्रम फुकट आसा. चड म्हायती खातीर गोंय ऊर्जा विकास संस्था, फोन नं. 2437401/2437402 वा सशवरसेरऽूरहे.लो हया ई-मेलाचेर संपर्क करचो.

मा/सप/जीपीपी/जॉआ/विगां/सुसुका/2018/1775